**जागरुकता आनी जबाबदारीच्या भावनेन महामारी आड लडो**

गोंय आतां कोरोना मुक्त राज्य जाला आनी हे लक्षांत घेवन राज्य सरकारान लॉकडावनाच्या कालावधीत लागू केल्ले निर्बंध सदळ केल्यात. निर्बंध सदळ जाल्ल्या कारणान लोकांच्या उदरनिर्वाहा खातीर राज्यांत हालचाली खातीर मजत जाला. नोवल कोरोना एक जीवघेणो विशाणू आसा आनी ह्या महामारीच्या रोगाक लागून तयार जाल्ले संकट आजूनय कमी जाल्ले ना. शेजारच्या राज्या सयत पुराय देशांत भरांत खुबश्या घटनांत वाड जाल्ली आसून ही बाब चिंताजनक आसा. ही सद्याची परिस्थिती लक्षांत घेवन गोंयच्या लोकांनी सतर्क रावचे आनी व्हायरसाचो संसर्ग जावपा पासून स्वताक पयस दवरपा खातीर चड सावधगिरी बाळगूची. ही उमेदीचें आनी शांततायेची जीण जगपा खातीर कुटुंबांतल्या व्यक्ती सयत स्वताचेय संरक्षण करपाची खात्री करची.

कोरोना विशाणूच्या महामारीच्या रोगाचो प्रसार आनी जनजागृती करून सामान्य जनते मदी प्रतिबंधात्मक उपायां सयत व्हायरसाक प्रतिबंधीत करपा खातीर सरकारान वेगवेगळे उपाययोजना केल्यात.

अश्या वेळार जेन्ना संवसार कोविड -19 च्या संकटात सापडला, तेन्ना गोंयच्या लोकांक सद्या सुरू आशिल्ल्या लॉकडावनाच्या काळांत सुशेग मेळिल्ल्या कारण देशांतल्या कोरोना मुक्त जावपाच्या कांय राज्यां मदीं सूची जाल्ली आसा. निस्संशयपणान, ह्या यशाचे श्रेय मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत ह्यांच्या फुडारपणा खाला पुराय सरकारी यंत्रणेन सुरू केल्ल्या यत्नांक दिवपाक शकतात आनी गोंयच्या लोकांनी केल्ल्या मार्गदर्शक तत्त्वांच्या अंमलबजावणींत देशव्यापी लॉकडावनाच्या वेळार संयम पाळळा तशेंच समाजीक अंतर सतत चालू दवरपा खातीर आनी फेस मास्क घालप ह्या संदर्भात गृह मंत्रालयाचे (एमएचए) निकश सद्याक अस्तित्वांत आसात.

सुरुवातेक, जेन्ना कोविड -19 महामारी पुराय देशभर पसरिल्ली तेन्ना लोकांच्या मनांत भंय आनी हुस्को निर्माण जाल्लो, कारण ह्या

नोवल विशाणून जाल्ल्या संक्रमीत दुयेंतींक बरे करपा खातीर योग्य वैजकी उपचारांची उपलब्धताय नाशिल्ली. आतां मेरेन संवसारभर कितल्याशाच लोकांचो जीव गेला . आयज पुराय संवसारांत मरणाचो आंकडो दिसान दीस वाडत वचप ही मानवजाती खातीर हुस्क्याची बाब आसा कारण महामारी आजुनूय कमी जाल्ली ना.

गोंयांत लॉकडावन लागू जाल्या उपरांत, कोविड -19 आड झगडपाक राज्य सरकाराच्या यत्नांक पुरक करपा खातीर लोकां कडल्यान पुराय मनांतल्या दिल्लो तेंको आनी सहकार अभूतपूर्व आसा. स्थानीक स्वराज्य संस्था, जाळवणदार, स्वयंसेवक संघटनांचें प्रतिनिधी आनी ज्येश्ठ-स्तरा वयले अधिकारी ते सकयल्या दर्जाच्या कर्मचार्या मेरेन सार्वजनीक सेवक ह्या भयानक किलर विरोधांत झगडपाक हातभार लावपा खातीर मुखार सरल्यात. गरजू लोकां मेरेन पावपा खातीर खुबश्या लोकांनी मुख्यमंत्र्यांच्या मदत निधींत हातभार लायला.

कोरोना व्हायरसा विरोधान सावधगिरीचो उपाय म्हूण राज्य सरकारान गोंयांत जे एक आंतरराष्ट्रीय पर्यटन थळ म्हूण वळखतात कोविड-19 चो प्रसार आनी ताच्या विरोधान लढो दिवचे खातीर कितलेशेच मार्गदर्शकी शिटकावणे, आदेश, परिपत्रकां जारी केली गोंयांतल्या जाती, धर्म, पंथ आनी सगळ्या पक्षां कडेन संबंदीत आशिल्ल्या सगळ्या लोकांनी ह्या रोगा विरोधान लढो दिवपाक सरकारच्या प्रयत्नांक तेंको दिला. लोक समाजीक अंतराचें सक्तीन पालन करतात, फेस मास्क घालतात आनी गृहमंत्रालयान वेळोवेळ जारी केल्ल्या मार्गदर्शक तत्वांचें पालन करतात. लोकां कडल्यान लॉकडावनाचें उल्लंघन जाता अशी घटना चुकून घडटा हें हाचे वयल्यान स्पश्ट जाता.

दोतोर, नर्स, निम-वैजकी कर्मचारी, पुलीस कर्मचारी आनी ह्या लड्यांत सामील अशा सगळ्या आघाडीच्या योध्दांनी पार पाडिल्ली म्हत्वपूर्ण भुमिका तोखणाय करपा सारखी आसा.राज्य सरकारान

अनवळखी व्यक्तींक गोंयांत प्रवेश करपा पासून आडावपा खातीर सगळ्यो आठूय प्रवेश बिंदूंक बंद केल्यात. लोकांचे जिवनावश्यक वस्तू, वखदां, भलायकी देखभाल सुविधा सारकिल्यो गरजो भागोवपा खातीर बेगोबेग पावलां उखल्लीं.

सरकारी कार्यालयां आनी भौशीक सुवातींच्या नितळसाणी खातीर पुराय राज्यांत स्वच्छता मोहीम राबयली ते अतिरिक्त सरकारान हेर कितल्याशाच उपायांचो अवलंबय केलो जातूंत सरकारी कर्मचारी आनी सर्वसामान्यांचें तापमान तपासपा खातीर थर्मल गन खरेदीचो समावेश आसा. देशाच्या कांय भागांत अडकून पडिल्ल्या तारवट्यांक हाडपाक येसस्वी थाल्लें जाल्यार संवसारांत हेर अडकून पडिल्ल्या तारवट्यांक परत हाडपाचे प्रयत्न चालू आसात. सरकारान अडकून उरिल्ल्या विदेशी नागरिकांक तांच्या मूळ स्थानार परत वचपा खातीर सुविधाय दिली.

हो संसर्गीक रोग केन्नाय तकली वयर काडपाक शकता म्हूण भविश्यांत चड सावधान आनी सतर्क रावपाक जाय.सद्याच्या परिस्थितींत आमी जापसालदारकेन आनी सतर्कतायेन वागपाक जाय जाका लागून आमी रोगमुक्त जातले.

--
DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA